**डॅक आनी इंजीन रूम क्रिव्ह प्रशिक्षण अभ्यासक्र प्रवेश**

ता. 22 नोव्हेंबर 2023

कॅप्टन ऑफ पोर्ट्स खात्याच्या बिठ्ठोण हांगाच्या मरिटाईम स्कुलात 26 डिसेंबर 2023 सावन चार म्हयन्याच्या डॅक आनी इंजीन रूम क्रिव्ह प्रशिक्षण अभ्यासक्रमाक सुरवात जातली. ह्या प्रशिक्षण अभ्यासक्रम  प्रवेशा खातीर उमेदवार कमीत कमी इयत्ता सातवी पास आसपाक जाय. उमेदवाराक पेवपाक कळपाक जाय. उमेदवाराची कमीत कमी पिराय 18 वर्सां आसपाक जाय. प्रवेश अर्ज 23 नोव्हेंबर सावन मरिटाईम स्कुल, बिठ्ठोण हांगा सकाळी 10.00 ते सांजेची 4.00 ह्या वेळेत उपलब्ध आसतले.

ह्या प्रशिक्षण अभ्यासक्रमाक प्रवेश घेवपाक इत्सुक आशिल्ल्या उमेदवारांनी पुराय म्हायती, शिक्षणीक पात्रताय, जल्म दाखलो, आधार कार्ड आनी पाच फोटो सयत आपले अर्ज 7 डिसेंबर 2023 मेरेन मरिटाईम स्कुल कार्यालय, बिठ्ठोण हांगा सुपुर्द करचे.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/904

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.